०२-०५-२०२५

सकाळी : ७.२५

प्रादेशिक खबरो :

सी एम जनगणना -

जातीप्रमाण जनगणना करपाच्या केंद्र सरकाराच्या निर्णयाचे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी स्वागत केला. ह्या निर्णयाक लागुन सामाजित तशेंच अर्थिक सुधारणा जातली अशी प्रतिक्रिया तांणी दिल्या.गोंयांतुय जातीय जनगणना जावची अशी फाटल्या साबार वर्सासांवन मागणी आशिल्ली, आता ही मागणी पुराय जाल्या. जातीय जनगणना करपाचो निर्णय हो देशातल्या बऱ्याचश्या नागरीकांखातीर महत्वाचो थारतलो असो विस्वास मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी ह्यावेळार व्यक्त केला.

जाती प्रमाण जनगणना करपाचो केंद्रीय मंत्रिमंडळाचो हो निर्णय इतिहासीक स्वरूपाचो आसा, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी म्हळे.
असो निर्णय ह्यान पयलीं खंयच्याच सरकारान घेवंक ना, अशें सांगतनाच मुखेलमंत्र्यांंनी ह्या निर्णयाक येवकार दिलो.
गोंयांत भंडारी समाजाच्या फुडाऱ्यांनी जातनिहाय जनगणना करपाची मागणी केल्ली. ह्या निर्णयाक लागून भंडारी समाजाची मागणी मान्य जाल्या.
इ - श्रम - सी एम

गोंयांत खासगी कंपन्यांनी, तशेंच बांधकाम आनी खासगी क्षेत्रात काम करपी कामगाराचेंर अन्या जाता आसात वा तांका तांच्या कामगार हक्कापासत वंचित दवरले जाल्यार सरकारा अशा व्यवस्थापनाचेंर, वा कंत्राटदाराचेर कडक कारवाय करतलो अशी शिटकावणी मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या,बांधकाम क्षेत्रातल्या कामगारांची ई- श्रम कार्डावरवी नोंदणी करप सक्तीचे आसा अशे मुखएलमंत्र्यानी म्हळा. (byte)
गोंयचे जे नागरीक खासगी आस्थापनांनी काम करता ताका कामगार कल्याण मंडळावरवी घर बांधपाक, तांच्य भुरग्यांत शइक्ष्यावृत्ती दिवपाक, तशेंच लग्न जावपाखातीर सरकार अर्थिक मजत करतले अशीय घोशणा ह्यावेळार

मुखेलमंत्र्यानी केला. ते गोंय कामगार आयोगावरवी कामगार दिसा निमतान आयोजित केल्या श्रम गौरव पुरस्कार दिवपाच्या कार्यावळीत उलयताले.

वेव्स 150

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हाणी आज मुंबयत जिओ वर्ल्ड कन्व्हेन्शन सेंटरात पयल्या जागतिक ऑडिओ व्हिज्युअल एंटरटेनमेंट समिट (वेव्हज) २०२५ चे उकतावण केले. या वेळार उलयताना मोदी हाणी म्हणले की, वर्ल्ड ऑडिओ व्हिज्युअल अँड एंटरटेनमेंट समिट (वेव्हज) हे संक्षिप्त रूप ना, तर ते संस्कृती, सर्जनशीलता आणि वैश्विक संबंधांची लाट आसा. ही एक जागतिक माची जे कलाकार आणि निर्मात्यांच्या नवीन कल्पनांक उर्बा दितली अशे ताणी म्हळे. आमी ऑरेंज अर्थव्यवस्थेच्या वाढीच्या युगाचे साक्षीदार आसात. ऑरेंज अर्थव्यवस्थेचे तीन स्तंभ म्हणजे आशय, सर्जनशीलता आणि संस्कृती. भारत संगीत, चित्रपट आणि गेमिंगचे जागतिक केंद्र जायत आसा. ऑरेंज अर्थव्यवस्थेच्या भरभराटीसयत, भारताचो ग्राफिक आणि एनिमेशन उद्योग प्रचंड वाडीक मुखार सरतलो आणि देशा खातीर आर्थिक समृद्धी हाडटलो अशे प्रधानमंत्री उलयले byte

श्री लाइराई देवी जात्रा 170

गोयची नामनेची शिरगावची श्री लाइराई देवीची जात्रा फालया सावन सुरू जाता. ते निमतान भक्ताक येवकार दिवपाक शिरगाव सज्ज जाला., लांखानी भाविकांचे श्रद्धास्थान आशीली श्री लयिराई देवीची जात्रा फल्या 2 मे सावन सुरू जातली ते उपरांत फुडले 5 दिस लाखानी भाविक देवीचे दर्शन घेतले. जात्रे दिसा फातोडे सावन व्हड संख्येन भाविक गावात येवपाक लागतात. दिसभर वेगवेगळे धार्मिक विधी जातात आणि मध्यान राती देवीचे व्रत घेतीले हजारांनी धोंड देवी मुखार पेटिल्या भगभगपी होमखंडातल्यान वचत अग्नि दिव्य करतात. जात्रेच्या दुसऱ्या दिसा सावन चार दिस कौल जाता. जात्रे निमतान प्रशासनान पाच दिस शिरगावा खर पोलिस बंदोबस्त दवरला.

लोकांनी शिस्त पाळून देव दर्शन घेवचे, गाडयो कशाय कशो  पार्क करून  येरादारीक आडमेळ हाडची न्हय अशे देवस्थानाचे अध्यक्ष दिनानाथ गावकार हाणी आवाहन केला. इतले मजगती जात्रा प्लॅस्टिक मुक्त जावची देखून शिरगावच्या शाळेच्या भुरग्यानी 2000 कागदी पोतयो तयार केल्यात

आयपीएल - ८०

आयपीएल क्रिकेट सर्तीत काल राती जाल्ल्या खेळात  मुंबई इंडियन्स पंगडान राजस्थान रॉयल्स पंगडाक १०० धावंड्यानी हारयले. राजस्थान पंगडान कुरुबावलो जिंकून पयली गोलंदाजी करपाचो निर्णय घेतलो. मुंबई पंगडान निर्धारित २० षटकांत दोन बाद २१७ धावंड्यो केल्यो. मुंबईच्या रायन रिकेलटनने सगळ्यात चड ६१ धावंड्यो केल्यो. उपरांत मुंबई पंगडान दिल्ले २१८ धावंड्यांचे मोख साध्य करप राजस्थान पंगडाक जमले ना. तांचो डाव ११७ धावंड्यातूच सोपलो. ट्रेंट बोल्ट आनी कर्ण शर्मान दरेकी ३ गडे बाद केले.

आयज गुजरात टायटन्स पंगड सनरायझर्स हैदराबाद पंगडा आड खेळतलो. हो खेळ सांजे ७.३०क सुरु जातलो.